१९-११-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

इफ्फी 70

भारताच्या 56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव इफ्फीची सुरवात फाल्यां भारताच्या चित्रपटसृष्टीचे दायज दाखोवपी एका उत्साही सांस्कृतिक परेडीन जातली. 20 ते 28 मेरेन गोंयांतल्या पणजी शारांत 80 वयर देशांतले मानेस्त आनी चित्रपट निर्माते एकठांय येतले आनी भारतांतले आनी परदेशांतले मेळून 270 वयर चित्रपट प्रदर्शित जातले.

**जिल्लो पंचायत**

जिल्लो पंचायत वेंचणूक फुडें धुकलपाचो निर्णय सरकारान घेतला. ती आतां 13 च्या जाग्यार 20 डिसेंबराक जातली. हे विशींचो आदेश पंचायत सचिवांनी जारी केला. मजगतीं, मुंबय उच्च न्यायालयांत आरक्षणाक आव्हान दिवपी याचिकेचेर फुडली सुनावणी २५ नोव्हेंबराक जातलीे. राज्य वेंचणूक आयोगान जिल्लो पंचायत वेंचणुकेच्या आरक्षणाची अधिसुचवणी जारी केल्या. हे अधिसुचवणे गोंयच्या मुंबय उच्च न्यायालयांत आव्हान दिलें. ही याचिका सुनावणेक येवचे पयलींच सरकारान जिल्लो पंचायत वेंचणूक एका सप्तकान मुखार धुकलपाचो आदेश जारी केलो.

सुनावणे वेळार सरकार आनी राज्य वेंचणूक आयोगान प्रतिज्ञापत्र सादर करपा खातीर वेळ मागलो. हाका लागून आता 25 नोव्हेंबरा उपरांत वेंचणुकेची अधिसूचोवणी जारी जातली.

120 मीठाच्याआगर

मीठागराच्या संवर्धनाच्या फांटभुयेर काल खाशेल्या कार्य समितीची मंत्रालयात पयली बसका जाली. गोंय सरकाराकडच्यान “मीठागर संवर्धना खातीर एक समर्पीत येवजण सुरू करपाचो निर्णय ह्या बसकेत जाला. पारंपारीक मीठागराचो वेवसाय परतून हाडप, मीठागराच्या मालकांक अर्थीक मजत दिवप, गोंयच्या गिरेस्त सांस्कृतीक आनी शेतकी दायजाची राखण करप हो ह्या उपक्रमाचो हेत आसा. मीठागरा करपी शेतकारांक पुराय आदार दिवपाक आनी हो पारंपारीक उद्देग तिगोवन दवरपाक सरकारान ही येवजण चालीक लायल्या. मिठागराच्या वेवसायात आशील्ल्या जाळवणदारांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवचो अशे आवाहन ह्या बसकेदरम्यान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.आयज गोवन ह्या ब्रेण्डाच्या कार्यपद्धतीचो नियाळ लेगीत मुखेलमंत्र्यान घेतला.गोवन ह्या ब्रेड्णाडावरवी गोंयचे पारंपारीक खाणाचे जिन्नस,वस्तु,पिकावळ गोंय सरकार माची दीता.हातुल्यान गिवगिऱ्या वाठारातल्या मनशांक खुपश्यो रोजगाराच्यो संद तयार जाला

(जीसी) बसका

हवामान बदला खातीर राज्य गव्हर्निंग काउन्सिलाची (जीसी) पयली बसका काल मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला जाली.ह्या बसकेत हवामान बदलाच्या फांटभुयेर उपाय येवजणेवीशी road map करपाचो निर्णय जाला., तातूंत उपाय येवजण्यो आनी टिकावू उदरगतीच्या ध्येयांचो आस्पाव आसा. हवामान बदला खातीर राज्य कृती आराखडो चालीक लावप आनी हवामान आनी पर्यावरणपुरक प्रकल्पाक मान्यताय दिवप हांचो आस्पाव आसा. आमच्या पर्यावरणाची राखण करपा खातीर आनी गोंय पर्यावरणपुरक शाश्वत उदरगतीच्या नदरेतल्यान राज्य सरकारान महत्वाचे निर्णय घेतल्यात अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या. गोय राज्य पर्यावरणपुरक करपाच्या फुडाराखातीर वेगवेगळ्या खात्यां मदीं घटमूट समन्वय आनी समाजांतचो सक्रिय सहभाग महत्वाचो आसा अशे तांणी म्हणला.

SIR २०२६ रील - ८०

गोंयच्या मुखेल वेचणूक अधिकारी कार्यालयान नागरिकांक तांचे गणना फॉर्म सादर करपाक ऊर्बा दिवपाखातीर SIR २०२६ रील सर्तीचे आयोजन केला. हे सर्तीत वाटेकार जातात तांणी ह्या उपक्रमाचो प्रचार करपाखातीर ६० ते ९० सेकंदांची इंस्टाग्राम रील तयार करून सीईओ गोवा हँडलाक टॅग करून ती पोस्ट करची. रील लिंक DM वरवी लेगित धाडू येता. २५ नोव्हेंबर २०२५ मेरेन फकतभौशिक खात्यांत प्रवेशिका खुली आसतली. १०,०००, ५,००० आनी ३,००० रुपयांची रोख इनामा हेवेळार

दितले. सर्जनशीलता आनी सोशल मीडियावरवी राज्यात मतदारांचो आस्पाव घटमूट करप हो हे मोहिमेचे मुखेल हेत आसा.

हवामान -

गोंयात पणजे चडानचड तापमान ३२.९ डिग्री सेल्सियस जाल्यार उण्यात उणे तापमान १९.२ डिग्री सेल्सियस नोंद जाला. जाल्यार मुरगावा चडानचड तापमान ३३.२ डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे तापमान १९.८ डिग्री सेल्सियस इतले नोंद जाला अशें गोंय वेदशाळेन सांगल.

FIDE - ६०

गोंयात हडफड्या सुरु आशिल्ल्य्य FIDE संवसारीक कप २०२५ च्या सर्तीत काल उपांत्यपूर्व फेरीयेत भारतीय ग्रँडमास्टर अर्जुन एरिगेसीन वेई यी आडचो आपलो दुसरो क्लासिकल खेळ बादाबाद दवरपाक येस मेळयले. कालच्या उपांत्यपूर्व फेरीतल्या पयलो क्लासिकल खेळ बादाबाद दवारल्या उपरांत, दोनूंय खेळगड्यांमदलो सेगित दूसरो खेळ लेगित बादाबद जालो. आता आयज टाय-ब्रेकात ह्या दोगांमदलो जैतीवंत खेळगडो निश्चित जातलो. वस्तादपणाच्या शर्यतीत अर्जून हो एकोडो भारतीय खेळगडो आसा.